पिटकोळ्यो

माया मोरजकार

पिटकोळेंचे फुल
चार पाकळ्यांचें
तशेंच म्हजें काव्य
चार ओळींचें

8311
Poem -> Dev
MAY

पिटकोळ्यो

कविता संग्रह

माया मोरजकार

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) ★
World Konkani Centre, Lobo Prabhu Nagar, Konkani Gaun, Shakthinagar, Mangaluru, 575 018.
8311 Poem/De
May

माया मोरजकार - प्रकाशन
मेरशी गोंय

पिटकोळ्यो	Pitkollyo
कविता संग्रह	Collection of Konkani Poems
माया मोरजकार	**by : Maya Morajkar**
© **माया मोरजकार**	© Maya Morajkr
प्रकाशन क्र. 02	Publication No. 02
प्रकाशक :	**Publisher :**
माया मोरजकार	Maya Morajkar
मेरशी गोंय.	Merces Goa.
पयली उजवाडावणी :	First Edition :
फेब्रुवारी 2020	February 2020
मांडावळ :	Layout :
महालक्ष्मी ग्राफीक्स	Mahalaxmi Graphics
सांखळी – गोंय.	Sankhali - Goa.
छापणावळ :	Printing :
इंप्रेशन्स बेळगांवी	Impressions - Belgaum
मुखचित्र:	Cover Page :
माया मोरजकार	Maya Morajkar
Price : ₹ 120/-	Price : ₹ 120/-

ओंपणीं

फातोर्डा शिमेचो राखणदार

येतल्यांक - वतल्यांक राखपी

वाट चुकिल्ल्यांक भटकल्ल्यांक घरांदाराक पावोवपी

संकश्टांच्या उल्यांक पावपी

एकसूरपणांत आधार दिवपी

खेत्रीकडल्यान आमकां राखपी

मनांतली कामां जाग्यार थारोवपी, जाग्याचो राखणदाराक

एकशें -आठ पिटकोळ्यांची माळ

जांबावलींच्या श्री दामबाबाक भक्ती भावान अर्पण.

मोगा....!

तूं म्हजो
हांव तूजे
आमी दोगाय एकामेकाची.....!
ही आमची मोगाची व्याख्या
सुख दुखात म्हज्या वाटेकार जावपी
मना पासून मोग म्हजो करपी
आधाराक तुजो खांदो म्हाका दिवपी
तुमची सावळी म्हज्या सावळेंत चलपी
असो म्हजो मोगी
असो म्हजो घरकार
म्हजो सौभाग्य श्री. सुनिल भ. कांदळगांवकार
हांकां
मोगान हें पुस्तक ओंपता

काळजातल्यान पिटकोळ्यो फुलतानां.....

पिटकोळ्यो ह्या पुस्तका वरवीं कोंकणी साहित्याच्या मळार मनमोगा उपरांत पिटकोळ्यो हें म्हजें दुसरें पावल म्हण हाची म्हाका खूब खोस भोगता. पिटकोळ्यांची फुलां चार पाकळ्यांची तशेंच म्हजें काव्य चार ओळींची. पिटकोळी ल्हान आंकारानी विंगड विंगड रंगानी आनी घोंसांनी फुलपी पिटकोळ्यो पळोवन मन पिटकोळ्यवरी हांसता. देवळांत प्रसादाक लावपी फुलां पिटकोळ्यो जातूंत देवाचो हयकाराचो आनी न्हयकाराचो प्रसाद लागता. अशें हें ल्हान फुल आसून लेगीत देवाच्या व्हड कार्यात वावुरता. तशेंच म्हजें हें ल्हानशें चारओळी काव्यांत जीणेंतली खोलायेची पारख दिसून येता. जातूंत सुख - दुख,उतार - चडाव, हांसप - रडप, ह्या सगळ्यां गजालीचो आस्पाव पिटकोळ्यांच्या घोंसानी १०८ फुलातल्यान उत्पन्न जाल्यात.

ह्या साबार पिटकोळ्यांनी अणभविल्लो दर एकां खिणांची भोंवडी. जीणेच्या वाटेर काट्यांतल्यान फुलांच्यो पाकळ्यो पुंजावन एकठांय करून पुस्तक रूपान हाडपाक म्हाका मदत करपी सैम. सैमान आपलेपरीन म्हाका प्रभावीत करून उतरान उतर जुळोवन वाक्य रचना करपाक मदत केल्या. आनी सरभोंवतणी आसपी म्हज्या जिवितांत कळत - नकळत ज्या मनशांनी म्हाका दुख दिवपी, खोस दिवपी त्या सगळ्यांचे हांव उपकारी कारण तूमकांच लागून हें काव्य रचपाक लागलें, कुस्तार जीणेंच्या वाटेर चलूंक शिकलें.

कोंकणी भाशेचो मोग आशिल्यान म्हजी ही दुसरी साहित्य कृती उजवाडा हाडपाक अमीत ठाकूर देसाय हांच्यानी अक्षर जूळोवणी केल्लेंखातीर तांचे उपकार.तशेंच साहित्यिक भौ.काशिनाथ नायक हांणी पुस्तक छापपाच्या कामांत म्हाका भरपूर आदार दिलो

म्हूण हांव तांचे सदांच उपकारी आसा. तशेंच जेश्ठ आनी श्रेश्ठ लेखक,कवी भौ.संजीव वेंरेकार हांणी स्वता लक्ष घालून, कमी वेळान प्रस्तावना बरोवन दिली. तशेंच वेळार वेळार मार्गदर्शन केलें म्हण हांव तांचे सदाकाळ आभारी आनी ऋणी उरतलें.

एक गजाल म्हाका मुजरत सांगन दिसता ती म्हळ्यार म्हज्या सारख्या नव्या लेखकांक मार्गदर्शन करपी,आपलो मोलादीक वेळ दिवपी संजीवबाब वेंरेकार, एक व्हड लेखक आसूनसुध्दा खलतीकायेन वागपी,ह्या तांच्या सभावाक लागून आमी नवे लेखक मन मेकळेपणान उलोवंक शकता.

चारोळ्यांचें हें पुस्तक हांवेन दोग जाणांक ओंपला. पयली ओंपणी आमचो राखणदार श्री दमोदर देवाक आनी दुसरी ओंपणी म्हज्या मोगाळ घरकाराक.ह्या पुस्तकाक हांवेंनूच मुखचित्र रंगयला म्हण म्हाका चड खोस जाता.

तशेंच म्हज्या मोगाळ वाचप्यांक ह्यो पिटकोळ्यो तूमच्या पोरसांत फुलूंक दवल्यात. जेन्ना जेन्ना तुमकां विंगड विंगड रंग पळयन दिसता तेन्ना तेन्ना तुमी त्यो वाच्यो. तुमच्या अभिप्रायाची वाट पळयता.

तुमचें
माया मोरजकार

वाचप्यांक चितूंक लावपी मायाच्यो कविता...

एक दीस माया मोरजकार हे नवे कवियत्रीचो म्हाका फोन आयलो. आपल्या पिटकोळ्यो ह्या कविता संग्रहाक हांवें प्रस्तावना बरोवचीं असो ताणे सरळ प्रस्ताव दिलो. हांवें म्हळें कविता घेवन यो. पयलीं वाचता आनी सांगता. म्हज्या सकारात्मक उतरांनी ताका बरोच खोस जाली हें ताच्या फोनावेल्या उलोवपांतूच कळटालें.

दुसरेच दिसा तें आपल्या कवितेचें बाड घेवन म्हगेर आयलें माया वेवसायान शिक्षक. कुंकळ्ळेच्या मारिया बांबिना उच्च माध्यमीक विद्यालयान तें शिकयता. तें रावता मेरशे. मेरशे ते कुंकळ्ळे हो बरोच लांब प्रवास. ताच्या चडशा कवितांचो जल्म बसींतूच जाता आसूंक जाय. कोंकणींतले नामनेचे कवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हो तांचो आवडटो कवी. ताच्या पिसोळीं ह्या कविता संग्रहाचेर ताणे बरेंच प्रेम केलां. हे ताच्या उलोवपात जाणवतालें. पिटकोळ्यो ह्या आपल्या कवितां खातीरच्य ताणे चार वळींचीच मर्यादा घालून घेतल्या. काय कवितांचे बाबतींत मनोहर बाबांचो साचो आपणायलो तरी मायाची कविता स्वतंत्र आसा. ताचें कडेन उलयता उलयता हांवें कविता नदरेखाला घाल्यो. सामाजीक जाणिवांनी तपथपिल्लीं तांचीं कवना नकळटांच म्हज्या काळजांत घर करूंक लागलीं. म्हाका ताचेर बरोवचेशें दिसलें. कवियत्रीच्या जीणेतल्या अणभवांचें दर्शन ताच्या ह्या पिटकोळ्यो संग्रहान घडले बगर रावना. कांय कवितांचे बाबतीत मनोहरबाब आनी चा.फ्रा.द कोश्ता हांच्य कवितांचो प्रभाव वाचक म्हणून म्हाका जाणवला. एखाद्या नामनेच्या आनी आवडट्या कविंचो

नव्या कविंचेर प्रभाव पडप हें नशें गैर न्हय. तें सभाविकूच आसतां आरंभाच्या काळांत तें घडटाय. पूण उपरांतल्या काळांत कविनीं हो प्रभाव कडेक सारून स्वतार्ची. अशी वेगळी शैली निर्माण करूंक जाय. तें करता तो कवी- कवियत्री नावा रूपाक येता. मायार्ची कांय कवना ख्रन्यांनींच वाचप्यांक अंतर्मुख्र करपा सारकीं आसात.

बदलल्या काळांत मनशाच्यो समस्या प्रस्न. दगदग वाडल्या. घुस्पागोंधळूय वाडल्या. दर मळाचेर स्पर्त आस्या.ताका लागून मत्सर. नस्याय हीच वृत्ती बळावल्या ताका लागून सामान्य मनशाक जीवन जगप हें आव्हानूच थरलां. कवी मनाचो जांव हेर कस्लेय कलेंचे आंग आशिल्लो मनीस आपलें दुःख्र वेदना उण्यो करपा ख्रातीर कलेच्या माध्यमाचें मलम म्हणूनवापर करपाचो यत्न करता. माया बायनूय तेंच केलां. अशें ताच्यो कविता वाचले उपरांत दिसून येता. आयुश्यांवयले ख्रूबशे चड- उतार हे कवियत्रीच्या वाट्यांक आयल्या अशें दिसता ते येवंक नाशिल्ले जाल्यार कवितांतल्यान उत्कट अशी भावना स्पश्टपणान व्यक्त जावप कठीनूच. सगळे तरेच्या अणभवांचे पडबींब ताच्या काकोड्यावयरी विणाल्ल्या जाळ्यांत वाचकान नदर्ली चालून चालून पळयल्यार दिसतलें. हे अणभव वाचाप्यांक आपलेशे दिसता.हे ताच्या कवितांचे येस. अशें हांव म्हणटा.खुंयच्या जपाचे माळेंत १०८ मणी आसतात. ह्या कविता संग्रहांतूय ताणें १०८ कवितांचो आस्पाव केल्ला. दिसपट्या जीवितांत येवपी अणभवांचो कवियत्रीन जप करीत करीत ही माळ गुंथल्या आनी गुंथतना आपलें काळीज व्हय करपाचो यत्न केल्ला. मनशांतीचो आनंद ताणें ह्या जपातल्यान घेतला. अशें म्हाका म्हणटा दिसता.

जीवितांतलें कांय प्रसंग. प्रस्न.विशय. धा- पंदरा पानांनीय मांडप पूर्ण जावंक शकना अशे कांय अणभव ही कवियत्री

फकत चार वळींनी व्यक्त करपाक यशस्वी जाल्या . ती ताकद कविता वाचता तेन्ना कवियत्रीचे प्रतिभेचे दर्शन घडूक पावता. तेय बी साद्या सोप्या चालंत उतरांनी. ताची एक देख हांव मुजरत हांगा दिवक सोदता.

चार वणटी
दार ना जनेल ना
असल्या काळख्या काळजांत
रावपाक म्हाका मान्य ना.

मनीस म्हण्टा ताका बंदखणीत आवडच ना. ताका मेकळेपणान श्वास घेवक मेळूंक जाय. ताका स्वातंत्र्य जाय ताका कितलीय सुखां दिली आनी बंदनाच्या पासांनी बांदून दवरलो जाल्यार ताच्या जीविताक अर्थ येना. ताचो भितरले भितर घुसमटमार जाता. आनी ह्या घुसमटमाराचो स्पोट जावन तातूंत कोण कोण कशे तरेन हुलपून वचत सांगूयेना. मनशाची धडपड ही मेकळेपणा खातीरच आसता. हें सत्य.

काळख्या काळजांत घुसमटपाचें दुर्भाग्य समाजातल्या कितलेशाच बायलांच्या वांट्याक आयलां. तातल्यांन तांचे जीणेची माती जाल्या. आयज बायलांक आपल्या अधिकारांची जाणीव जाल्या. आनी असल्या काळख्या काळजांत रावप म्हाका मान्य ना. हें सांगपाचें धाडस्यूय तांकां जाला. हें मायाची कविता आमकां दाखोवन दिता. म्हाका वाचक म्हणून ताची ही वेली कविता खूबच भावली.

मायाचे आनीक एके अप्रतीम कवितेन म्हजे मुखार प्रश्नचिन्न उबें केलां. ताणे वाचप्यांकच एक म्हत्वाचो प्रश्न विचारून विचार करपाक कसो लायता तो मुजरत पळयात.

जिणेच्या वाटेर चलतना
तोंपतात कांटे
म्हणून घालतात पायांत जोतें
जाल्यार काळजांक घालूं कितें?

आयच्या समस्यांनी दगदगिल्ल्या अशा वातावरणात दर एकल्याच्या काळजाक कांटे तोपत आसतात. तातल्यान जावपी वेदनांनी मनीस तळमळत आसता. पांयांक कांटो तोपून दुख्ख जायत म्हणून आमी पांयांक जोतें वा बूट घालतात. ताका लागून कांट्यांपासून राखण मेळटा. काळजाक कांटे तोपतात ताचें कितें? तें कशें आडावपाचें? हालींच्या काळांत काळजाकूच चड कांटे तोपतात. अशे वेळार काळजाक राखण कशी मेळपाची. असो कवियत्री प्रस्न विचारता. तेन्ना वाचक चिंतनाच्या जाळ्यांत घुसपल्ले बगर रावना. कवियत्रीन आपले कवितेंतल्यान वाचप्यांच्या काळजाक ल्हवूच कांटो तोपून जाग हाडपाचें बरें काम केलां. खुब्यांनीच पिटकोळ्यो संग्रहांतली ही श्रेश्ठ कविता.

समाजातल्या कितलेशाच बायलांच्या व्यथा वेदनांचें ल्हवपांक पणान चित्रण करपी बऱ्योचशो कविता ह्या झेल्यांत वाचूंक मेळटात. बायलांक उणाव लेखपाची समाजांतली वृत्ती अजून पूर्णपणान ना जावंक ना. ताचेर उपहासात्मक रितीन चाबूक वोडपी एक कविता मुजरत वाचपा सारकी आसा.

घर तुजें
भुरगीय तुजीं
हांवूय तुजेंच.
तुज्या दारांतलें पांयपुसणें....

समाजांतलें बायल मनशेचें हें केदें व्हडलें दुख्खणें? आनी दुर्भाग्य? आमी दादल्यांनी बारीकसाणेंन केल्ला बायलांच्या काळजांचो, तांच्या भावनांचो केन्ना थाव घेतल्ला व्हय? चलशें दादलें

बायलांच्या मनाचो थावूच घेना.

तांकाय म्हणून एक मन आसता. तांकांय समाजांत स्थान आसूंक जाय. हाचो विचारूय न करपी आमचो समाज आसा. ह्या समाजाची बायलांक पळोवपाची नदर बदलपाकूच जाय. मायान प्रथम पुरूशी पध्दतीन ही कविता बरयली आसली जाल्यार नेगीत एक संवसारीक विशय ताणे आमचे मुखार उबो केला. हें दुख्ख एका कवियत्रीचें न्हय. समाजातल्या कितलेशाच बायलांचे. देखून हे कवितेक अधिक म्हत्व आनी गांभिर्य प्राप्त जावंक पावलां. ही कविता वाचतकच हांवूय खिणभर अस्वस्थूच जालो.

कवियत्रीन जीणेंत खूब सोसलां हाचो प्रत्यय कविता वाचताना येता. कवियत्रीन काळजातल्यान कागदार देवयल्या ह्या अणभवांक संवसारीक रूप प्राप्त जालां. वेदनांची झळ सोंसिल्ल्या बायल समाजाची प्रतिनिधी म्हणून कवियत्रीन ह्या अणभवांचें चित्रण केलां. आपले अणभव उक्तावपाक कांय कडेन माया बायन ओपारींचोय नकसूद तरेन वापर केल्लो दिसता. उतरांचो खेळ करूंक करीत व्हडलो आशय थोडेंच उतरांनी मांडपाचें कसब्य कवियत्रीक आसा.पूण आपली कविता चार वळींचीच जावपाक जाय ह्या हट्टाक लागून कांय कविता फसल्यात बी. फशिल्ल्या कवितांचे एक उदाहरण पळयात.

एक रात अशी आयली
दोळ्यात रातूच नासली
रातीचो जालो दीस
दोळ्यांतली न्हिद जागराणान सारली.

खरें म्हणल्यार हे कवितेक निमाण्या दोन वळींची गरज कितें तीच दिसली ना. पयल्यो दोनूच वळी वाचप्या मुखार सगळो आशय उबो करता. संपूर्ण परिस्थिती उबी करता. वाचप्याक चिंतनाच्या जाळांत घुसपावन वडयता. पूण आपले कवितेंत कितल्यो वळी

बरोंवप हो कविचो अधिकार तो हांव काडून घेवक शकना. मायाबायक प्रसन्न जाल्ल्या काव्य प्रतिभेची मशागत करीत रावल्लें जाल्यार कवितेच्या प्रांतात ताका फुडार आसाच. कोंकणींतल्या दर कवी. लेखकाक स्वताचो असो वाचकवर्ग तयार करचो पडटा. मायाबायनूय तसो वाचक वर्ग तयार करपाचें काम करचें. सोप्या साध्या उतरांनी कविता बरोवपाचें तंत्र विकसीत करीत रावचें. ताच्या ह्या संग्रहाक हांव बरो फुडार आंवडेता. हे प्रस्थावनेंत हांवें ताच्या सगळ्याच कवितांचेर बरोवक ना. त्यो वाचप्यांखातीर सोडल्या.

संजीव वेरेंकार
मंगेशीं
9422643629

बीयें विणें झाड ना
झाडा विणें बी ना
शिक्षका विणें विध्यार्थी ना
विध्यार्थी विणें शिक्षक ना.

एक एक तुजें मोतयां दुक
मोतयां माळ हांवेन गुंथली
लग्न म्हजेकडेन जांवचे
म्हूण काळें पिड्डकां तूवेंन गुंथलीं.

चार वंटी
दार ना, जनेल ना
असल्या काळख्या काळजांत
रावपाक म्हाका मान्य ना.

तुज्या केंसात
मन म्हजें घुस्पलां
केसाचीं जटा सुटना
मनाच्यो गांटी सुटून सुटना.

स पावलां म्हजीं
चार पावलां तुजीं
पावलां मेजता -मेजता तूंच विसरता
मनीसपणाची वाट तूंच चुकता.

हांव ओंवळां पुजायता
तूं पार्दिकां पुजाय
पुजायल्लीं फुलां
तुज्या काळजांत परमळाय

म्हाका याद जाता
वाट पळयल्ल्यो त्यो राती
रातभर जळपी हांव
लामाण दिव्यांतल्यो वाती

हांताची बोटा पांच
एकूय सारकी नात
तुजे म्हजें विचार
एकूय सारकें जुळनात.

कल्परुखा
जागेच्या माडा
सावळी आसरो दी
छायेचो आदार दी.

झोपाळ्यांत मन
म्हजें धोलता
झोपाळ्याची दोरी तुट्टा
म्हजो विश्वास मोडटा

हांव विसर घालता
तुका विसरपाची
विसरपाचींच गजाल विसरता
आनी परतें तुकाच याद करता.

तरनाटो विचारता जाणट्याक
आस्सा कितली गिरेस्तकाय?
जाणटो म्हणटा जितली वाडटा पिराय
तितलीच वाडटा अणभवाची गिरेस्तकाय

रात येता
राती न्हिदत न्हिदता
पूण सपनांत
सपन मात जागता.

पावस झडटा
मन चिप्प भिजता
दोळ्यां पानकडीं ओल्ली जायत
याद तूंजी हाडटा.

मशाल जळय
काळजात पेटय
काळखी जीण
उजवाडान फाकय

गेले ते दीस
याद करून
दुखी जायनाका परत तें
दीस याद करून

मोग, मोगरे कळो
कळो फुलता
दोन मनां जुळटात
मोगा फुल परमळटा

लिपयलां तुका
दोळ्यातल्य बंद पातकडेंत
आता तूं सोद म्हाका
तुज्या मनाच्या उकल्या दोळ्यांन

दिगंतेच्या पलतडीं
उगडास येता यादीं
कल्पनेतल्या जगा भायर
एक संवसार रचता आलतडी

वय वाडटा, केंस पिकतात
एक एक धवें केस तोडटा
म्हातारपण झडटा
तरनाटेपण चडटा

तूं जंय जंय
म्हजी सावळी थंय थंय
तुजी पावलां जंय जंय
म्हज्यो यादी थंय थंय

काळजाच्या दारांर मारता उलों
तूं दार उगड वा ना उगड
म्हजें काळजां दार सदांच उगडें
तूं केन्नाय उगड

गाल तुजें हांसतात
ओंठ म्हजें उलयनात
दोळ्यांत म्हज्या तूंच दिसता
तुज्या नदरेंत कोण भोलतोच दिसता.

कानांत सांगता
कोणाक सांगिनाका
तूं कानार केस ओडटा
सगल्याक सांगूक भोवता.

काळोख दाटलां
हांव तुज्या काळजांत शेणलां
उजवाडाची वात पेटयत सोद म्हाका
जंय हांव शेणलां

म्होवा मूस
मारता कूस
फार्मील म्हण्टा हेंच सुख ..?
घरांतल्ली मनशां लायतात कुस..!

दोळ्यांत दाटलां काळोख्र
काळजांत तिनसांज
दीस उदेवच्या आदी
उदेवक दी तुज्यो यादीं

एक पांय तळ्यांत
एक पांय मळ्यांत
तुजें म्हजें लग्न घडूं
मोगरे कळ्यांत

फुलां माळटात
चण्या झाडांर चडयतात
आयज ना फाल्या नकळटा
तुज्या माथ्यार बसता.

मन -मनां शेणटा
यादीं नीकळून गळटा
गळिल्यो यादीं
पोश्यांत भरीत चलता.

घारशें तूजें दोळें
जशें हारश्या खोले
तूज्या हारश्या दोळ्यांत
दिसता रूप म्हजें काळें

गोड-गोड उतर पानांर वाडटा
वाडिल्लें उतर चाकून घे
चाकिल्ल्या गोडसाणेंन
गोड - गोड उतरांनी उलय

8311

घरांची पारख
आंगण पळोवन करची
बींयेची पारख
शीतावेल्यान करची

दिसता तशें नासता
म्हणून जग फसता
फसता म्हूण जाणवता
जाणल्या उपरांत अणभवता

निळें दोळे रडटा मळबाक
निळ्या दोळ्यतली दुकां
निळ्या दर्यान भरता
निळ्या मळबार निळों दर्या तेंकता

सपनांत चलता
अकस्मात पडटा
सपनांत पडिल्लें सपन
असतीत्वांत आंग काडटा

भात पिकता
रसाळ लागता
मोग फुलता
म्होवाळ लागता

देव तोंडार न्हय
मनांत आसचो
नितळ कपडे न्हय
नितळ मन आसचो

तुवेंन दिल्लें फुल
काळजांत परमळलें
सुंगध घेवचे आदीं
थंयच बावलें

एक रात अशीं आयली
दोळ्यांत रातूच नासली
रातीचो जालो दीस
दोळ्यांतली न्हीद जागरणान खाल्ली

वाट पळयता
दीस मेजीत
याद काडटा
दुका गळयत

सोयरे नात
दायरे नात
हेंच उगडास करूंन
रडून कांडटा दीस

उंटगाराचो पावस झडटा
यादीं तूजीं रकता
नदरें नदर भरता
मोगाची भरती वाडटा

चोर आयलों, चोरून सगळें व्हेलें
पयली न्हिद चोरून व्हेली
मागीर मन अपहरण केले
निमणे गळ्यांत मणी बांदून आपलेच केले

लग्न जायना कित्याक रे बाबा?
लग्न जालो कित्याक रे बाबा?
लग्न जालोना कित्याक रे बाबा?
एक जीव सदाशीवूच......बरो रें बाबा

वय वाडटा
एक सोपण चडटा
चडिल्ली सोंपणां
एक दीस निखळून पडटा

निर्शेवणी इतली वाडल्या
काळोख्र सगळ्याक पसरलां
उजवाडांत दिस्पी सावळी
आतां काळख्रांत दिस्पाक लागल्या

आंगण पावसांन भिजयलां
मातये वास शिपडांयलां
तूं येवचो आसा म्हण
तुजें स्वागत केलां

बरय बरय
कादेनार बरय
भरय भरय
भुरग्यांक भरय

याद आयली काय
उगडास आयलो
पूण आयल्लीं जशीं दोगांय जोडप्यान
यादेस्तींक उरल्लीं तीं भुरग्या रुपान

काळीज जालां खळप
रडपाक आता जमनां
दोळ्यांतलो दर्या
आख्खो सुकला

कितलो वाद
कितलो राग
सोडून तूकां वचूंक शकना
काळीज म्हजें तूवेंन चोरलां

मोडिल्लो विश्वास
तुटील्लो विचार
जिणेंच्या वाटेर
चलपाक कुस्तार

कळत ना कळत तूं दुख दिता
कळटा तेन्ना
कळकूंच ना अशें समजता
तेन्ना म्हाका दुख जाता

खण खण खणटा
तूज्या मनांतलो दुबाव उसपिता
हीं दुबावाची पाळां
मुळांसकट हुमटून भिरकायता.

घरांत सोयरी
गांवात वास
शेजा-यागेर शिजतां
कुयण्यांत जळिल्ल्यो खबरां

तळ्यात फुल्लां
साळक
कुस्वेंत रचला
बाळक

मातीं कसय
बांया शिपडाय
मोग किळ्ळय
मनीसपण पिकय

जिणेंच्या वाटेर चलतना
तोपतात काटें
म्हूण घालता पायांत जोते....
जाल्यार काळजाक घालू कितें ?

आता वेळ म्हजो
मुठीत दाबला
हातीची घडयाळ
बंद हांवे केल्या

वता वता
केंस्तांव हाडटा
वाटेवयली सुणीं
बेसांव वाडटा.

हुंबऱ्यार नदर
बसल्या
तुजी नदर
भलत्याच हुंबऱ्यार पावला

दुकां गळोवचे पयलीं
मुठीत धरता
गालार पेवचे पयली
आंवडे घोट्टा

घर तुजें
भुरगींय तुजीं
हांवूय तूजेंच
तुज्या दारांतलें पायपुशणें

प्रयत्न करी
तुजें दोळे उगडपाक
उगडें जालें म्हजेंच दोळें
ह्याच प्रयत्नातल्यान

रोपी रोयतलो जाल्यार
बींया घालूंक जाय
नातीं जूळटलो जाल्यार
काळजांत मांग किल्लांक जाय

तुजी यादि करता
मनांत गर्देर गर्दी
दोळ्यांत दुकांची भरती
आंगण बुडसर बुट्टी

हांव बागेंतले फुल
तूं पिसो भवर
रस म्हजो पिता,दुस-याच फुलार बसता
हांव त्याच खिणांत मरता.

आंगण शेणान सारयल्लें
तुळशींत तुळस फुलील्लीं
एक एक गोड यादीं
आदल्या कुरकुटांत शेंणीलें

हो दर्या म्हजो
हें रेवें घरूय म्हजेंच
हांव रावचे आदींच
दर्यांचें ल्हार येता घर म्हजें व्हावून वता.

सांज जाता
ओली याद हाडटा
भिजिल्लें मन
दोळ्यांत दुका गळयता.

म्हाका याद जाली
तुज्यो यादी
यादी याद करीत
तूंच याद जावन उरली.

वायट सपन
कितलेंय वायट आसूं
जेन्ना दोळे उगडटा
मन खुश्येन भरता

दोळ्यांतली प्रतिमा
काळजार छापलीं
यादीं काडून
कागदार ओतली.

कपडे साफ
आंग साफ
तरी येता घाण
मन ना साफ

तुटिल्लो काटो
कळजांत तोपता
दुखापत जावन
काळजांत करता किल्ली

रस्तो
सोपन सोपना
मनशांची
आस्त भागन भागना.

ताणें मागली माफी
हांवें दिली
कर्तुबांची विणीं
काळजांत विणिल्लीं उरलीं

हातीची रेखा
नशिब पारखितां
जीबेंची वाचा
वागणूक थारयता.

मोडिल्ल्या घरांत
मोडिल्ले वांशे
परत घर बांदूक मेळना
काळीज वायटीन खाल्ला

तुजो खांदो
बागय मात्सो....
रडूंक म्हाका
दी आसरो....

मासाहारी उतरां कानार पडटा
पोश्यांत धरता
सुपांत आसळून
अनवाणी वेंचून काडटा

ओली पाखां
उडूंक शकना
विश्वास तुटला
दवरूंक शकना

आयज हांव दुखी
तुज्या गालार खुशी
आयज हांव परकी
तुज्या नदरेंत अनवळखी

मोव कापूस
उडून वता
भिजिल्लें मन
बुडून वता

बंद दोळे
रडटात
रडिल्ली दुकां
काळजात गळटात

काळीज दुखता
तेन्नाच तें तुट्टा
हारिल्ल्या जीवितांत
अणभव म्हाका गावता

एकय वाट
तुजे कडेन वळना
ह्या वाटेची वागणूक
खरेंच म्हाका कळना

आपल्या नशिबांत आयिल्लें
केन्नाच चुकना
आर्नी वेळ आयल्या शिवाय
आमकां कांयच मेळना

पिकिल्लें वत
जालें भांगराळें
कोळश्या वरी काळीज
जालें मोतयांळें

म्हजी चारोळी केन्ना रचली
तेंच कळ्ळें ना
जेन्ना तुवें हीं चारोळी वाचली
तेन्नाच ती घडली.

घरांतलो कोयर काडलो
आनी भायर उडयलो
पूण मनांतलो घयरांव
काडपाक तूंच विसरलो.

पार्दिका फुलांनी
आंगणांत शिताडो केला
यादीचीं फुलां मनांत
परमळूंक लागल्यांत

कळ्याच्यों पाकळ्यों फुलत गेल्यों
तशीं नातीं जुळत गेलीं
फूल बावना पाकळ्यों झडटा
तेन्ना वेगळो अर्थ कळपाक लागलो.

तेऱ्या पानांर
उदक धरनां
कुसडेपणांत
बरेंपण तिगनां

कुपां गडगडलीं
जोगलां हांसली
मळब रकलें
म्हजें मन भिजलें

कळटा पूण समजना
जाणवता पूण दिसना
कितें चलता म्हज्या मनांत
तेंच म्हाका कळना

चोरपावलांनी ल्हवूच तूं
म्हज्या जिणेंत आयलो
मनांत म्हज्या सासणाचो
घोंटेर करून रावलो

साळकाच्या पानार
बरयतां तुजें नांव
मनांतल्यान घेता
म्हज्या मोगाचे नांव

देवाच्या गाबा-यांत
लामाणदिवो जळयलो
गर्भकुडींत म्हज्या
एक नवो जीव रचलो.

माणकुलो दिवो हांवें
पेटयलो तुज्या काळजांत
न्हय रे आनीक कोणाच्याच न्हय
फक्त तुज्या नांवान

सपनांतल्या कळ्या
सपनांतूच फुलप
त्या फुलांचो परमळ घेत
सपनांतूच जगप

आजुनूय फुलां फुलूंक नात
तरीय मोग तुजेर जालो
तुका सांगूंक म्हाका जमलें ना
फुलचे पयर्लांच मोगा कळयो मोन्योच बावल्यो

करूं करूं काना
म्हशी गेल्यो रानां
रानार्ची वाट चुकून पावल्यों
पोरस्पांत म्हज्या खावंक आडां

जिणेंच्या वाटेर चलतना
मेळपी वळखीचें
जालें आता
अनवळखीचें

गरीबाची खोप
वायटीन इबाडटा
गिरेस्ताची खोल
पयश्यान कळमेता

दिश्ट काडली
तिस्कार दवरली
हांव करूं विश्वास तुजो?
हो अंधविश्वास तूंजो

8311
Poem -> Konkani
MAY

तुजी कदर जाता
जेन्ना तूं गरजेक पावता
थोडो त्रास सोसून
तूं मनीसपण दवरता.

माया मोरजकार

नामो : आई अंबा निवास, चंद्रवाडा, फातोर्डा, मडगांव - गोंय.

शिक्षण : बी.ए., एम्.ए. (कोंकणी), एम्.ए. (हिंदी), बी.एड्., NET

नोकरी : मारीया बांबीना उच्च माध्यमिक विद्यालय, कुंकळ्ळे
हांगा फाटलीं १० वर्सांसावन विद्यादान करता.

साहित्यीक वावर : कॉलेजीत शिकता आसतना कविता बरोवपाक सुरवात,
कोंकणी नेमाळ्यांतल्यांन आनी दिसाळ्यांतल्यान कविता उजवाडाक
आयल्यात.

कोंकणी युवा साहित्य संमेलनांत वाटो.

आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर युवावाणी कार्यावळींत कथा, कविता सादर केल्यांत.

कविता, कथा, पथनाट्या, नाटकूलीं बरयल्यात. एड्स ह्या पथनाट्याक
पयलो इनाम फावो जाला.

विद्यार्थ्यांच्या सांगातान युट्युबाचेर 'पोलको' हें तीन मिन्टाचे कोंकणी
शॉर्ट फिल्म सादर केल्लें आसा.

'मनमोगा' हो कविता संग्रह प्रकाशित जाल्लो आसा .

माया मोरजकार
प्रकाशन
मेरशी - गोंय.

5371